# <u>25 जानेवारीक 11 वो राष्ट्रीय मतदांर दीस</u>

ता. 22 जानेवारी 2021

राजकीय प्रक्रियेत वोटो घेवपाक युवा मतदारांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर प्रत्येक वर्सा 25 जानेवारीक राष्ट्रीय मतदांर दीस मनोवपात येता. भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या स्थापणूक दिसाच्या उगडासाक 2011 वर्सा सावन हो दीस मनयतात. राष्ट्रीय मतदांर दीस मनोवप ही लोकशाय वेवस्थेत अभिमानाची गजाल जावन आसा. युवा मतदारांक सशक्त करप आनी लोकशाय मजबूत करपाक हो दीस समर्पित आसा.

गोंय मुखेल वेंचणूक कार्यालयान उत्तर गोंय जिल्हा वेंचणूक कार्यालयाच्या सहकार्यान ता. 25 जानेवारी 2021 दिसा दनपारां 12.15 वरांचेर पणजे मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत राष्ट्रीय मतदांर दिसाच्या राज्य पांवड्यावयल्या कार्यावळीचे आयोजन केला.

राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी ह्या कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे जाल्यार मुखेल सचिव श्री. परिमल राय मानाचे सोयरे आसतले. राज्य वेंचणूक आयुक्त श्री. चोखाराम गर्ग खास निमंत्रीत आसतले.

ह्या वेळार राष्ट्रीय मतदांर दिसाचो सोपूत दितले. तशेंच कला अकादमीच्या नाट्य कला विद्यार्थ्यांकडल्यान पथनाट्य सादर करपात येतले. तशेंच नव्या मतदारांचो सन्मान करतले आनी वेगवेगळे पुरस्कार भेटोवपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/102

--
Issued by Department of Information & Publicity